माती

रमेश भगवंत वेळुस्कार



K, Gokuldas Prabhu
CORPORATION BANK

रमेश भगवंत वेळुस्काराची हेर बरपावळ

मोनी व्यथा (कला अकादमी पुरस्कार)

मोरपाखां (कोंकणी भाशा मंडळ पुरस्कार)

भूंक भूंक भिशू (कोंकणी भाशा मंडळ नेहरु पुरस्कार आनी कला अकादमी पुरस्कार)

आंगणी नाचता मोर मोरया

सावुलगोरी आनी हेर कविता

फुलफाकुलीं

माती

(१५-३० ऑक्टोबर १९८२)

रमेश भगवंत वेळुस्कार

उजवाडावपी

कोंकण टायम्स पब्लीकेशन

बेती, बार्देश, गोंय

© सौ. मिथिलेशकुमारी वेळुस्कार

*

पयलें उजवाडावप

१९ फेब्रेर १९८३

अखिल भारतीय कोंकणी लेखक संमेलन

कुडचडें–गोय

*

मुखावयलें पान

चित्रकार : दिगंबर शिंगबाळ

*

मुद्रक :

सीताराम प्रिंटींग प्रेस

कडोलकर गल्ली, बेळगांव.

*

मोल ८ रुपये

*

उजवाडावपी :

सौ. हिरा तुकाराम शेट

कोंकण टायम्स पब्लीकेशन

बेती, बार्देश, गोंय–४०३१०१.

श्री पांडुरंग भांगी हांकां

माती

हांगासर हें खातोड
हो चिखल
ही माती
तुज्या मतान सगळें
अबरगती
तूं पयशिल्ल्यान चल
हें सगळें सोंसपाचें
तुज्यांत ना बळ
भाटकारा तुज्यांत ना बळ

ही माती
म्हजे कुडितले मातयेक
खबर आसा
हीं नातीं
तूं जांव नाकां खंती
भाटकारा
म्हाकां खबर आसा
तिच्यो पती – पती
ती म्हजी सर्गपती

माती २

माती
ही माती न्हंय
ती गंधवती

चिखल
हो चिखल न्हंय
ती मोगाची ओल

दिकळो
हो दिकळो न्हंय
हो म्हजो राग सगळो

कश्टवल्ले मातयेंत
ह्या हातीन रोयल्लें बीं
किल्लून येता
वेणो म्हज्या काळजाक
गाजोंवक लागता
म्हज्या दोळयांतल्यान
मोग झडता कणसांर
गोटो गोटो अुमेतीन धरता
मळब्राच्या पांयांचेर
म्हजी तकली झडटा

हें कोण
हो होंडो
म्हज्या वांयगणाचो कणो
हांव म्हज्या
वांयगणाचो गोणो

ह्यो कुणग्यो
ह्यो मेरो
म्हज्यो शिरो
गुरो ... म्हज्या शिरांत
शेंकरे
सरसरूंदी...

तळपावयल्यां
सरांटयाकडें मोग जोडीत
हांवें मळे राखल्यात
कोल्यांच्या कुयांनी
म्हजी भिरांत फापसून व्हेल्या
कोल्यांक दिस्ता ते जिखले
कोण जाणा
खंय भिकेचे धुवाळे शिकले

ह्या हातीनी तुजी भीक घेतली
ह्या हातीनी तुज्या पोटाक पीक दिली

माती ८

।

माती मत गायता
गीत होरायता
शिरंतरांनी म्हज्या
ल्हवूच दुसऱ्याची
भूक जागयता
माती गीत गायता
गीत गती गायता
माती गीत गायता

म्हजें काळीज काळें
ना... ना...
म्हज़े काळीज न्हंय काळे
तें तर नितळ उत्काचें
निळें तळें
म्हज्या काळजात देंवल्यार
तुमी लेगीत
जातले नितळ
तातूंत आसा
खोल खरायेची शितळ

हाडबोडयांनी
पावस पडूं
नड कितेंय
आसली जाल्यार
आपल्या आपूण
वचूं नडून

माती मोगान
किल्लतना
दुकांर म्हज्या
फुलां चडूं
फुलां चडूं

करंगूट आजगो
केंदळ पासणी
मनाक मातयेच्यो
फुलतात दसणीं
आयाव भुकेच्यो
आयाव सवाशिणी
म्हजे मातयेंत किल्लूं
केंदळ पासणी
तांचे व्हंटयेत घालतलों
सगळेंच एकसणी

हांव मस्ती-मती
पानांपानांच्या
आकारांचो
हांव तुस्त-मती
फुलल्या फुलां
साकारांचो

मस्ती म्हजी
मात्तयेंतुली
ओली ओली
न्हाल्ली धुल्ली
तुमचो मद बुडयात
जाय तसली मस्ती
ओडून घेयात

मातयेंतूच जाता फूल
मातयेचीच आमकां भूल
तुकां कितें दिस्ता
हांव सांगता तें फट
व्हासिमोर
तुजें सगळें नूल
मातयेचेंच जाता फूल

फातरांतुलो चोवन आकार
मनीस भुल्लो आपणाकूच
ताणे केलो फातोर साकार
फातरांतल्यान ताच्या
निराकार मनाचो
असो रुपकार

हजारांनी
आसा पती
तरीय म्हज़ी माती
पतिव्रता

माती १८

मातयेचे देव कित्याक ?
म्हाकां पुरो माती पुता
माती म्हजी शक्त आनी
शक्तिच्यो जरगती
ह्या जरगतिनी
खणी आसा
ह्योच खणी
खणत जाल्यार
अुब्यो जाता संस्कृती

गोत्र म्हजें माती
आनी पूर्वजूय माती
पुरी म्हजी माती
क्षेत्र म्हजें माती
देखून झाडां वाली
फुलांकडें
म्हज्यो सैरिगती

जमीन म्हजी बरी देखून
सांवळयांचो गांव आसा
जमीन म्हजी बरी देखून
गोड गोड्या उत्काचे
अप्रुपांचे थाव आसा
जमीन म्हज़ी बरी देखून
कुडीक म्हज्या नांव आसा

तांबड्यो तांबड्यो
काळ्यो काळ्यो
ह्यो मिनाच्यो खणी
तुमच्या खातीर
आमच्या हड्डुयानी
पोसल्या बारीक-जोरा काणी
तरी भाटकार म्हण्टा
आमच्यो खणी
आमच्यो खणी

कितले किल्लले
कितले पिकले
कितले मातले
कितले झडले
कितले झडवले
मातयेच्योच घडामोडी
सगळी मातयेचींच मोडणां

तुमकां मोतीं जाय
म्हाकां माती जाय
तुमकां बीज जाय
बीज अुजोंवक
म्हाकां नीज जाय

म्हज्या हातांक पाळां येता
म्हज्या पायांक पाळां येता
म्हजे तकलेक पाळां येता
म्हजे नदरेक पाळां येता
धरतरेच्या पोटांत आतां
म्हजे म्हाकांच फळां येता
म्हजे म्हाकांच फळां येता

भुरगेपणांत माती खाल्या
रातींअितीं
मातयेचो ध्यास पिलां
कोणेय चोवन
काडला कुशीन
पुण मातयेक अंतर दिवक ना
म्हज्या अंतकरणात
माती भरून दवल्ल्या

पावस घामाचो झडयलो
माती पिकयली
धरतरेन
आशेर म्हजे
फुलां रूजयलीं
फुलां खाल्लीं चोरांनीं
म्हाकां बियाक नागयलो
सत म्हजें
सोडून म्हाकां
सतय सतयलो..

म्हांका आसा पाळां
म्हांका सगळो कापल्यारूय
म्हाकां भिरांत दिसना
कापात म्हजीं पाळां
जितलीं जितलीं कापशात
तितलीं वाडत वयतलीं कुळां

शेताबांदानी हांवें
सांजो पिकयल्यो
मना मेटानी हांवे
राती अुजयल्यो
पयस तुवें रावून
म्हज्यो भगल्यो
सजयल्यो

सासाय म्हजे मातयेची
म्हाकां पातयेना
सासाय म्हजे मातयेची
म्हाकां आतयेना
हो सासाय सांवार
म्हज्या बसता मनार
आनी बसता रुंवार
म्हज्या बसता पांयार
आनी मातयेर हांव
लोळोंक लागता
जावन मातयेचें ल्हार

माती
म्हजी रती
आंगा-आंगान फुलती
सुर्याच्या तेजाची माती
म्हजी गती
उर्ध्वगती

मळबाच्या मोगान
आपल्या रुवांरुवांतल्यान
मळब्राकडे झोंपय घेवपी
अखंड झाडांच्या घोग्यांच्या
ओघांत
म्हजी माती
कितल्यो तिच्यो रंगती...

तूं म्हाकां फटयशी
म्हज्यांतले मातयेक
फटंव शकचो ना
तुज्यांतल्या मातयेच्या निजाक
ती वळखता

मातयेचे नळे
मातयेचे पारे
मातयेची बुनयाद
मातयेच्यो चुली
मातयेची भाणकुलां
मातयेवेलें अुदक
मातयेंवेले भात
मातयेचोच गांव
आनी मातयेचोच हांव
मातयेचींच फळां
मातयेचींच जनावरां
कोण कोणाक खाता हांगा
सांगू कसो हांव...

म्हाकां तुजो हात दी
तुज्यातले मातयेक
म्हाकां वळखूं दी
कळूं दी
मातयेंतल्यान तुवें
माती घडल्या
हे मातयेंत म्हाकां
मस्तूं दी
हे मस्तिल्ले मातयेंतल्यान
तुवें म्हूर्त घडल्या
तिका वाऱ्याच्या हुंकारातल्यान
होरांव दी
तिच्यात प्राण फुलूं दी
माती मातयेंतल्यान
साकारतना
मातयेचें हड्डें फुलून येता

माती मातयेक वयतना
अखंड कुडीतले मातयेक
भार येता...

मुतूं नाकां
मातयेर
पुण हें सोंसपाची
शक्त आनी कोणातूच ना
तिच्यांत मुताचे
भांगर करपाची शक्त
मातये मातये
तुकां दोन हातीनी
नमस्कार करूंक जमना
देखून भेंडाची मूंज
लेगीत सोडून
तुकां ही थर्त वेंग

माती मत धुती
हांगा वेगळचो
ना जाती
भश्ट सश्ट
म्हणऽ ना गा
मातयेच्यो म्हूर्ती

जाकां मातयेचो
विसर
तेच म्हण्टात, "वेद म्हण्टां
पयस सर"

झगडह्यात
झगडटले
झगडतूच अुरतले
मातयेचें माथें
आनी मळबाचे पांय खंय
ह्याचे नातें
सांगा कशें
सांगा हांका होलमतलें ?

माती आसल्यार
माथीं हजार

रुतू येता
रुतू येता
रुतू न्हंय
माती गितां
गायता
मनामदीं
नवी गितां
रोयता

माती आनी सूर्य
सूर्य आनी विर्य
सूर्य आनी विर्य
विर्य आनी माती

तुमचो अभिमान
सूर्याक दियात
तुमचे विकार
सूर्याक दियात
तुमचे वेगळेचार
सूर्याक दियात
तुमचो एकचार
मातयेक दियात
तुमचो मोग
मातयेक दियात

तुमच्या कपलाक आसा
तिसरो दोळो
तुमच्या कपलांक
हांव होरायतां
अुक्तो जांव तुमचो दोळो
आनी सद्दरीं तुमचे वांगडा
आमचोय अभिमान गळों

तुमी तुमच्या
नीज भावांची
पिडणूक केली
तुमी तुमचें
वळखलें ना दायज
मातयेचीच
तुमकां दितां
भास आयज

धर्तरेमाये
गुन्यांव भोगोस
तुज्या बाळकांक
मस्त मातलेल्या
तुज्या बाळकांक
गुन्यांव भोगोस
आयज लेगीन
नासलें तांकां
खबर तांचें दायज

भुरगेपणांत
रोयल्लीं झाडां
तेन्नासान म्हजे कुडींत
मातयेचींच मोडां

मातयेवयलो विस्वास
उणो जाता
तेन्ना आमी घरां बांदतात
आनी निमाणे
घर सोडून मातयेंत वेतात

मरून लेगीत
जर हांव कित्यांत
भरसून वचूं शकन
जाल्यार ती माती

म्हाकां जर कोणे
अुबारुन धल्ला आसत
जाल्यार मातयेन

संसारातली सगळी
सुंदराय
माया
किमया
जया
ही माती माया
सासाया

अनंत माये माती

"मोरपाखां" कविता संग्रहाउपरांत "माती" हें रमेशाचें आनीक अेक जैतिवंत पावल. सैमाक मानवीक रुपान केळोवप हें रमेशाचे कवितेचें खाशेलेपण. ताचे कवितेचो भरतेभार नियाळल्यार दिसता, तो आयजोच कवी न्हय तर फुडल्या कितल्याशाच वर्सांचो कवी.

"माती" म्हळ्यार अेक काणी. मातयेकडें नातें जडिल्ल्या रयताची. हो रयत मातयेंत आपलें अस्तित्व सोदतां सोदतां, अशा अेका थराक पावता, जंय ताचें अस्तित्व मातयेपासून वेगळें काडपूच शक्य जायना. रयताक पुराय होलमलां – मातयेन आपणांक पोशे भर भरून दिलां. पैलाडचें देखपाक नदर दिल्या. भार पेलपाक शक्त दिल्या. थिरावपाक पाळां दिल्यांत. रचणाऱ्याच्या पांयार लीन जावपाइतली नम्रताय दिल्या. हडें मुखार काडपा इतलो अभिमान दिला. मुक्तपणान किरोबपाची अुपाट अुमेद दिल्या. आनी तेचखातीर मातयेचो ध्यास घेतिल्लो रयत मातयेची व्हडवीक गायताना संतोसता, हो रयत तृप्तीन तुश्टता. जमनीचो मालक कोणूय जांव पुण माती आपणांक आस्पावन घेवपी अनंत माया, हाचो दिव्य दिस्टावो जावन तो संताचें त्राणीन म्हणटा – "मातये वयलो विस्वास उणो जाता / तेन्ना आमी घरां बांदतात / आनी निमाणे / घर सोडून मातयेंत वतात" रमेशाची असली कविता काळजांत घोंटेर बांदता.

– पुंडलीक नारायण नायक